Akashwani panaji regional news 7.25 am 24th feb 2026

39ए कलम रद्द करचे अशी मागणी करपी व्हड प्रमाणांत महा आंदोलन आयज पणजेत तापले.हे कलम रद्द करचे अशी मागणी करून लेगीत सरकार कानामनार घेना असो आरोप करीत राजकी फुडारी आनी पाले शिरदोण नागरीकांनी तशेंच तांच्या आंदोलनाक तेको दीवपी समर्थकांनी शार उदरगत मंत्री विश्वजीत राणे हांच्या दोनापावलच्या बंगल्याचेर चलुन मोर्चा वरपाचो व्हरपाचो यत्न केलो.. हो मोर्चा पणजे आझाद मैदानावेल्यान सूरू जाल्लो मात पुलिसांनी आंदोलनकारांक दोनापावला सर्कलाकडे आडवपाचो यत्न करून लेगित टे मुखार सरले .

लोकांक निशेध करपाचो अधिकार आसा पूण तांणी शिश्टाचार तिगोवन दवरचो; कायदो आपल्या हातांत घेवप बरोबर न्हय; निदर्शकांक, आमदारांक हांव आवाहन करतां की वैयक्तीक गुप्तताये खातीर मंत्री निवासस्थानी निशेध करचे न्हय; ३९एक केस न्यायालयांत चालू आसा, थंय चर्चा करूं येता. नगरानियोजन कायद्याचे कलम 39(A) प्रकरण सर्वोच्च न्यायालयांत आसा, ताका लागुन न्यायप्रविश्ट आशिल्ल्यान ह्या प्रकरणावीशी आंदोलन करपाची ही पद्दत न्हय अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. आंदोलन केल्यार चूक न्ही,मात कायदो आनी सुवेवस्था इबाडी नासतना शांतीकायेन मागण्यो मांडच्यो अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. शिस्त पाळुन तोडगो काडप महत्वाचे अशी प्रतीक्रीया मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी 39(A) आंदोलनावीशी उलयतना दील्या.

पारंपरीक दर्याच्या ज्ञानाक आधुनिक तंत्रज्ञानाची जोड मेळ्यार दर्यासंबंदी अर्थवेवस्था आनीक घटमुट जातली, अशी आस्त मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी उक्तायली. दोना पावलच्या एनआयओ सभाघरात सोमारा संवसारीक सागरी परिशदेचे (ओशियन कॉंग्रेस) उक्तावण जाले. उक्तावण सुवाळ्याक गोंय विद्यापीठाचे कुलगुरू हरिलाल मेनन, विज्ञान भारतीचे अध्यक्ष प्रसाद रांगणेकार हाजीर आशिल्ले. गोंयांत एनआयओ, एनसीएओआर, कृशी संशोधन संस्था, आयुश

संस्था, आयआयटी, एनआयटी अशो संस्था आसा. हाका लागून विज्ञानाचो प्रचार आनी विज्ञानीक वातावरण गोंयांत बऱ्या प्रमाणात आसा. गोंयच्यो दर्यादेगो ह्यो पर्यटन मळार फामात आसा. पर्यटन, नुस्तेमारी, जहाज बांदणी हे उद्देग दर्याचेर निंबून आसा World ocean science congress चे उक्तावण आयज पणेज दोनापावला राश्ट्रीय समुद्रविज्ञान संस्थेच्य सभाघरात जाले. त्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले

गोंय ग्राम समृद्दी येवजणे खाला दरेकी मतदारसंघात एक तरी प्रकल्प पुराय जातलो. तशेच अर्थसंकल्पात हे येवजणे खातीर फाटले वर्सा परस अंदू चड तजवीज करतलें, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलां. हे फुडें आमदारांनी शिफारस केल्या प्रकल्पांक प्राधान्य दितले. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी बसका घेवन गोवा ग्राम समृद्दी येवजणेचो नियाळ घेतलो. हे येवजणे खाला राज्यात 131 प्रकल्प सुरू आसा.

काणकोणच्या सादोळशे इग्रजीचे पाद्री आनी फामाद कोंकणी लेखक मायरन जेसन बार्रेटो हे दालगाद कोंकणी अकादेमीचे अध्यक्ष म्हूण वेंचून आयल्यात.२०२६ ते २०२९ अशा तीन वर्साखातीर वेंचून आयिल्ल्या

Imd

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान३१.6 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २२.८ औंश सेल्सिअस नोंद जाला.

SPORTS

गोय क्रिकेट संघटनेन आयोजित केल्ल्या उत्तर गोय अ गट league क्रिकेट सर्तींत चाललेंजर्स स्पोर्ट्स क्लबाचा १०२ धावड्यानी , पराभाव करून पेडणे cultural sports cluban जैत मेळयलें